राजश्री कामत   प्रादेशिक खबरो  १४.०१.२०२६ @ ७.२५ am

Dip 55

राज्यपाल पुसापती अशोक गजपती राजू हांणी लोकभवनात आयोजीत कार्यक्रमात सुमार 200 डायलिसीस आनी कॅन्सर दुयेंतींक अर्थीक मजत भेटयली. राज्यपाल मजत निधीतल्यान ही अर्थीक मजत भेटयल्या. आदले राज्यपाल पी.एस. श्रीधरन पिल्लई हांणी डायलिसीस आनी कॅन्सर दुयेंतींक अशी अर्थीक मजत दिवपाक सुरवात केल्ली आनी आता सध्याच्या राज्यपालान ती चालू दवरल्या, अशें राज्यपालांचे सचीव अर्जुन मोहन, आयएएस हांणी येवकाराच्या भाशणात सांगलें.

गणेश 120

स्वातंत्र्या उपरांत फुडले ५० वर्सांत सरकाराक वंदे मातरमाचो विसर पडलो. वंदे मातरमाचो मंत्र दिवंक नासले कारणान नक्षलवादी कारवायो वाडपा सयत काश्मीराची समस्या वाडत गेली. आयच्या नवनिर्मिती आनी तंत्रज्ञानाच्या काळात फुडें वचपा खातीर वंदे मातरम उर्बा दिवपी आसा, अशें मुखेलमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी सांगलें.

सभाघरात मंगळारा वंदे मातरमाक १५० वर्सां पुराय जावपा खातीर चर्चा जाली. देशाक स्वातंत्र्य मेळोन दिवपा खातीर बऱ्याच सुटके झुझाऱ्यांनी प्राण ओपले. मोहन रानडे, जगन्नाथराव जोशी हे राष्ट्रीय स्वयंसेवक संघाचे वावुरी गोंयच्या मुक्ती खातीर वावुरल्या. वंदे मातरम ह्या पदाचो राजकी वापर जावपाक जाय ना. भारतीय जनता पक्षाच्या सरकारा खातीर पयली देशहीत पयले सुवातेर आसा, अशें मुखेलमंत्र्यांनी सांगलें.

विरोधी पक्ष फुडारी युरी आलेमाव, वेंझी व्हिएगस, मंत्री सुभाष फळदेसाय, मंत्री सुदिन ढवळीकार, आमदार देविया राणे, विजय सरदेसाय, विरेश बोरकार हांची भाशणा जाली.

महेश सर 80

मुरगांव बंदरातल्यांन जावपि कोळसो हाताळणी वीशयावेल्यान अधिवेशनाच्या दुसऱ्या दीसा विरोधी वांगड्यांनी बोवाळ करपाचो यत्न केलो.केपेचे आमदार एल्टन डिकोस्टा हाणी ह्या विशयाचेर मुळ प्रश्न उपस्थित केल्लो. विरोधी पक्ष फुडारी युरी आलेमाव हांणी पर्यावरणीय दाखले घेय नसतना कोळसो हाताळणी सुरू आसा असो आरोप केलो..मुखेलमंत्री डॉ प्रमोद सावंत हांणी लेखी निवेदन सभाघरात सादर करून सरकार या विशयाचेर गंभीर आसा अशें स्पष्टपणान सांगले.मुरगाव मतदार संघात फुडल्या तीन चार म्हयन्याभीतर पीयंवपाच्या उदकाची पुरेशी पुरवण जातली अशी गवाय पीयंवपाच्या उदका खात्याचे मंत्री सुभाष फळदेसाई हाणी विधानसभेत दिली.आमदार संकल्प आमोणकर हांच्या प्रशनाक ते जाप दीताले.

Ganesh 100

युनिटी मॉल प्रकल्पाक विरोध करताना विरोधी आमदारांनी प्रकल्पा विरोधात घोशणा दिल्यो. तोयार तळ्यासावन युनिटी मॉल प्रकल्प हो ४०० मीटर पयस आसा. मॉलाक विरोध करपी आंदोलकांकडेन चर्चा करपाची सरकाराची तयारी आसा. युनिटी मॉलाचो चडान चड लाव चिंबलच्या लोकांक जातलो, अशें सांगत मुखेलमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी युनिटी मॉलाचे समर्थन केले.आमदार रूडॉल्फ फर्नांडिस हांच्या लक्षवेधी सूचोवणेचेर सभाघरात युनिटी मॉल प्रकल्पाचेर चर्चा केली. काँग्रेस, आप सयत सगळ्या विरोधी आमदारांनी प्रकल्पाक विरोध केलो. युनिटी मॉलाच्या विरोधात चिंबलचे ग्रामस्थ फाटले १७दिस आंदोलन करता. हो प्रकल्प तोयार तळ्याच्या प्रभाव वाठारात येना. पर्यावरणा सयत सगळे परवाने घेतल्या उपरांत मॉलाचे काम सुरू जालां. प्रकल्पाचो कसलोच परिणाम तोयार तळ्याचेर जावचो ना, अशें मुखेलमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी सांगलें.

Rashmi 130

तुये बांदिल्ले नवे हॉस्पिटल ३० जानेवारीक सुरु करतले आनी फेब्रुवारी म्हयन्यामेरेन ह्या हॉस्पिटलात लागपी साधन सुविधा, कर्मचारी, तशेच हेर प्रस्न सुटावे जातले अशे उतर भलायकी मंत्री विश्वजीत राणे हांणी दिला.फार्तोडेचे आमदार विजय सरदेसाय हांणी नगरपालिका वेचंणुकांखातीर वोर्ड राखीवता तशेचं फेर-रचणुक करतले काय किते असो प्रस्न केलो. ह्या प्रस्नाक जाप दितना मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी हे विंशी राज्य वेंचणुक आयोग निर्णय घेतले अशे म्हणला. जाल्यार पेडणेचे आमदार प्रवीण आर्लेकार हांणी प्रस्तावीत आंबेडकर भवन केन्ना मेरेन येतले असो प्रस्न समाज कल्याण खात्याचे मंत्री सुभाश फळदेसाय हांका केलो . ह्यावेळार मंत्री सुभाश फळदेसाय हांणी केंद्र तशेच राज्य सराकराच्य जोडपालवान सरकार आंबेडकर भवन उबारतले अशे म्हणला. राज्यात चोरयो, घरफोडी, देवळाच्यो फंडपेटी, तशेंच हेर चोरयांचे गुन्हयाव वाडला. अशा गुन्याहावांचेर निंयत्रण हाडपाखातीक रोबर्ट मोटरसायकलीवरवी पुलिसांची गस्त वाडोवपाची गरज आसा अशी मागणी कळंगुटचे आमदार मायकल लोबो हांणी केली

Sushant 40

कोंकणी भाशा मंडळान आयोजीत केल्ल्या २७ व्या गोवा युवा महोत्सवाचे येवकार अध्यक्ष म्हणून नरेंद्र सावयकार हांका एकमतान वेंचून काडल्या. अंदूंचो युवा महोत्सव गोवा विद्याप्रसारक मंडळ फोंडा आनी अंतरूज घुडयो बांदोडा हांणी जोडपणान आयोजीत केला. जी.व्ही. एम.कॉलेज फार्मागुडी हांगा 17 आनी 18 जानेवारीक हो महोत्सव जातलो.

Sushant 40

तिसऱ्या बुलबुल आंतरराष्ट्रीय बाल चित्रपट महोत्सवाक काल सावन सुरुवात जाल्या १७ जानेवारीमेरेन हो महोत्सव चलपाचो आसून ३८ देशांतले वट्ट ७३ सिनेमा प्रदर्शित करतले.नामनेचे फिल्म अभिनेते आणि दिग्दर्शक नागराज मंजुळे हांच्या

उपस्थितीत  भौशीक बांदकाम खात्याचे मंत्री दिगंबर कामत हांणी ह्या महाेत्सवाचे उक्तावण केले.

Weather 10

पणजी वेधशाळेन नोंद केल्या प्रमाण पणजेत कमाल तापमान  34.9 डिग्री सेल्सिअस नोंद जाला तर किमान 24.6 डिग्री सेल्सिअस नोंद जाला.

Sports 10

माशे  क्रिकेट कलबान आयोजित केल्या ४४ व्या नंदा लोलयेकर यादि्स्तक लथेर्बल क्रिकेट सरतीत  मडगाव क्रिकेट कलबाचो  २६ धावडयानी परभव  केलो